18th Sept 2026 8.40am

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भारताक संवसारीक पांवड्यार विश्वसनीय, सेमीकंडक्टर उत्पादन केंद्र म्हूण स्थापित केलां.
- भारतीय वेचणूक आयोगान तृणमूल काँग्रेसचे नाव आनी वेंचणूक चिन्ह निलंबित केला. दोनूय गटांक, नवे नाव आणि चिन्ह थरावपाचे निर्देश दिल्यात.
- राष्ट्रीय परीक्षा एजन्सीन इंग्रजी, वाणिज्य आणि समाजशास्त्र या विषयां खातीर घेतिल्या, UGC-NET जून २०२६ परीक्षेची निमणी उत्तरतालिका जारी केल्या.
- आपल्या आर्थिक हितसंबंधांचे रक्षण करून, ऊर्जा सुरक्षा सुनिश्चित करपाक, आवश्यक ती सगळी पावलां उबारतले, अशे भारतान म्हणला.
- दादल्यांच्या क्रिकेटांत भारतान, तिसऱ्या टी-20 खेळात, अफगाणिस्तानाक 127 धांवड्यांनी हरोवन, खेळामाळ ३ आड ० जिखली.

PM Semicon –

संवसार नवे आनी विस्वासांत घेवपा सारके उत्पादन केंद्र सोदता आनी ही मागणी पुराय करपाखातीर, भारत सेगीत तयारी करता, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. काल नवी दिल्लींतल्या यशोभूमिंत, ‘सेमीकॉन इंडिया 2026’चें उक्तावण करतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी, उदयाक येवपी जागतीक उत्पादन आव्हानांक फुडो करपाखातीर, भारताक एक विस्वासपात्र आनी सदांच तयार आशिल्ले केंद्र, म्हूण सादर केलें.

सेमीकंडक्टर उद्योगाखातीर एक पसंतीचे केंद्र जावपाच्या दिशेन, भारत आवश्यक ती सगळी पावलां उबारता, अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हळे. जग नवीन आणि विश्वासार्ह उत्पादन केंद्रांच्या सोदात आसा आणि भारत ही गरज पूराय करपाक, स्वतःक सज्ज करता. भारताची सेमीकंडक्टर परिसंस्था वेगान विस्तारता आनी तातुंत नावीन्य, गुंतवणूक आणि विकासाच्यो नवीन संधी निर्माण जाता हाचेकडे, प्रधानमंत्र्यांनी लक्ष वेधले. 'आर्टिफिशियल इंटेलिजन्स'च्या प्रचंड मागणीचेर ताणी चर्चा केली.

देशातलो प्रत्येक नागरिक 'विकसित भारत' घडवपाच्या निर्धारान काम करता. भारताची वाड जागतीक पुरवण साखळी घटमूट करतली आनी संवसारभर आव्हानां मदीं, नवी संद निर्माण करतली, अशें मत प्रधानमंत्री मोदी हाणी उत्कायलें.

आपल्या उलोवपात प्रधानमंत्री मोदी हाणी, नवी दिल्लीत हालीच जाल्या 'ब्रिक्स' परिषदेचोय उल्लेख केलो. भारतान या परिषदेचे यशस्वी आयोजन केले आणि हातुन सगळ्या सदस्य देशांच्या एकमतान 'नवी दिल्ली जाहीरनामो' स्वीकारलो. विदेशात संशोधन करपी तरणाट्यांनी, भारतातल्या प्रगत तंत्रज्ञानाच्या विकासात, सहभागी जावचे, अशेय आवाहन प्रधानमंत्री मोदी हाणी केले.

India on Crude Oil -

आपल्या आर्थिक हितसंबंधांचे रक्षण करपाक आणि ऊर्जा सुरक्षा सुनिश्चित करपाक, आवश्यक ती सगळी पावलां उबारतले, अशे भारतान म्हणला. विदेश वेव्हार मंत्रालयान सांगले की, देश आपल्या १ अब्ज ४० कोटी जनतेखातीर, ऊर्जा सुरक्षा सुनिश्चित करपाक ठामपणान कटिबद्ध आसा आणि विविध स्रोतांत पुरवण मेळोवन, बाजारातल्या बदलत्या परिस्थिती प्रमाण हे कार्य सुरू दवरतलो. अमेरिकेच्या 'House of Representative'जान एका विधेयकाक मंजुरी दिली, जे वरवी रशियन कच्च्या तेलाची खरेदी करपी देशांचेर, १०० टक्क्यां मेरेन शुल्क लादपाचो अधिकार, राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांका मेळतलो. हे फाट भुयेर भारताचे हे विधान आयला.

UGC Net Exam –

नॅशनल टेस्टिंग एजन्सीन इंग्रजी, वाणिज्य आणि समाजशास्त्र या तीन विषयां खातीर घेतिल्या UGC-NET जून २०२६ परीक्षेच्यो निमण्यो उत्तरतालिका, (final answer keys) जाहीर केल्यात. ह्यो उत्तरतालिका ugcnet.nta.nic.in या अधिकृत संकेतस्थळाचेर उपलब्ध आसात. ही परीक्षा या महिन्याच्या ९ आणि १० तारखेक, देशातल्या २७२ शारांनी ४५४ केंद्रांचेर जाल्ली.

Hindustan Aeronautics -

हिंदुस्तान एरोनॉटिक्स लिमिटेड आज बंगळूरुत, भारतीय हवाई दलाकडेन Light Combat Aircraft, Tejas Final Operational Clearance Twin Seater Trainers आणि एच.टी.टी ४०, बेसिक ट्रेनर एअरक्राफ्ट सुपूर्द करतले.

तसेच, सार्वजनिक क्षेत्रात उपक्रम आशिल्या, पवन हंस लिमिटेडकडे ध्रुव नेक्स्ट जनरेशन हेलिकॉप्टर्स लेगीत सादर करतले. या कार्यावळीक संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह आणि नागरी हवाई वाहतूक मंत्री राममोहन नायडू उपस्थित आसतले. संरक्षण मंत्रालयान म्हणला की, या विमानांचो समावेश ही, स्वदेशी क्षमता मजबूत करपाच्या आणि परदेशी स्रोतांवेले अवलंबित्व कमी करपाच्या दिशेन, घेतिल्ले आनीक एक पावल आसा.

PM Seva Sankalp Abhiyan –

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या ७६व्या वाढदिवसानिमतान, भाजपान कालपासून, महिनोभर चलपी सेवा संकल्प अभियानाची सुरुवात केली. हे अभियान मुखेलपणान तांची जनसेवेप्रती आशिली निष्ठा अधोरेखित करपाचेर आणि लोकांक खासा करून तरणाट्यांक, सेवाकार्यात सहभागी जावपाक प्रोत्साहित करपाचेर भर दिता.

Children Passport -

विदेश वेव्हार मंत्रालयान 'पासपोर्ट नियम, १९८०'त सुधारणा करून 'पासपोर्ट (सुधारणा) नियम, २०२६' अधिसूचित केल्यात. या सुधारणे प्रमाण, १५ वर्षां सकयल्या भुरग्याक जारी केल्लो ३६ पानांचो सामान्य पासपोर्ट, पाच वर्षां खातीर वा तो १८ वर्षांचो जाय मेरेन, यापैकी जो कालावधी पयलो पुराय जातलो, तो वैध आसतलो.

PM Mission Life -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, भौशिक सेवेतली २५ वर्सां पूराय करतात. हो प्रवास, जन सेवेतल्यान देश सेवा, या मंत्रान आणि आजय कायम आशिल्या अथक कटीबद्धतेन घडला. सेवा संकल्प अभियानच्या विशेष मालिकेत mission life ह्या प्रकल्पावरवी, हो दृष्टिकोन कृतीत कसो हाडलो, हाचे एक उदाहरण आसा. प्रत्येक हवामान कबलात ही सरकार आणि उद्योगामदी एक वाद थारला. COP26 हातुत प्रधानमंत्री मोदीं हाणी, 'मिशन लाइफ'चो प्रस्ताव मांडलो. तांणी असो युक्तिवाद केलो की, पुरवणी इतलीच, मागणी लेगीत एक महत्त्वाचे साधन आसा आणि उपभोगार नियंत्रण दवरप, हो कबलातीन लादलेलो नासून, एक पोरणी भारतीय सवय आसा.G20 नवी दिल्ली जाहीरनाम्यान तो स्वीकारला, जो त्या स्तरार मान्यताय मेळील्या वागणुकीचेर केंद्रित असो, पयलो हवामान आराखडा आसा.

या जाहीरनाम्यान 'धरती माते'प्रती सेवेची भावना हाडली, जाका लागुन जीवनशैली ही त्यागा वटेनची, एक सामायिक जबाबदारी जाली. उपरांत, हवामान कृतीचो विस्तार, सरकार आणि उद्योगांपासून वैयक्तिक जीवनशैली मेरेन जालो.

Trinmool Congress –

भारतीय वेचणूक आयोगान ऑल इंडिया तृणमूल काँग्रेसच्या, दोन प्रतिस्पर्धी गटांक, पश्चिम बंगालातल्या आगामी विधानसभा पोट वेचणुकी वेळार, पक्षाचे नाव आणि 'फुलां आनी गवत' हे चिन्ह वापरचे न्हय, असे निर्देश दिल्यात. आयोगान आपल्या अंतरिम आदेशात या गटांक, तांच्या गटांची नावां, आज सकाळी ११ मेरेन सादर करपाक सांगला. ममता बॅनर्जी आणि अरूप रॉय हांच्या फुडारपणाखाला, पक्षाच्या या दोन गटांच्या फुडाऱ्यांचे म्हणणे आयकुन घेतल्या उपरांत, आयोगान हो अंतरिम आदेश दिला.

Cricket –

काल रातीं नवी दिल्लींत जाल्ल्या, दादल्यांच्या क्रिकेटांत भारतान तिसऱ्या टी-20 सर्तीत, अफगाणिस्तानाक 127 धांवड्यांनी हरोवन, ३-० अशे सरळ जैत मेळयले. बॅटींग करतना भारतान थारायिल्ल्या 20 ओव्हरींनी, सात विकेटी वगडावन 221 धांवड्यो केल्यो. ताका जाप दितना, अफगाणिस्तान 14 पूज्य 1 ओव्हरींनी 94 धांवड्यो करूंक पावलो. ताचे आदीं अफगाणिस्तानान कुरुबावलो जिखून गोलंदाजी, करपाचो निर्णय घेतलो.

हवामान -

भारतीय हवामान खात्यान आयज बिहार, ओडिशा, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम, केरळ आनी राजस्थानांत व्हडा प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. उत्तराखंड, आंध्र प्रदेश, छत्तीसगड, गुजरात, मध्य प्रदेश, कोंकण, गोंय, कर्नाटक आनी लक्षद्वीपांत वीज आनी वादळी वारें वांगडा, गडगड मारपाचो अदमास काडला.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भारताक संवसारीक पांवड्यार विश्वसनीय, सेमीकंडक्टर उत्पादन केंद्र म्हूण स्थापित केलां.
- भारतीय वेचणूक आयोगान तृणमूल काँग्रेसचे नाव आनी वेंचणूक चिन्ह निलंबित केला.

- राष्ट्रीय परीक्षा एजन्सीन इंग्रजी, वाणिज्य आणि समाजशास्त्र या विषयां खातीर घेतिल्या, UGC-NET जून २०२६ परीक्षेची निमणी उत्तरतालिका जारी केल्या.
- आपल्या आर्थिक हितसंबंधांचे रक्षण करून, ऊर्जा सुरक्षा सुनिश्चित करपाक, आवश्यक ती सगळी पावलां उबारतले, अशे भारतान म्हणला.
- दादल्यांच्या क्रिकेटांत भारतान, तिसऱ्या टी-20 खेळात, अफगाणिस्तानाक 127 धांवड्यांनी हरोवन, खेळामाळ ३ आड ० जिखली.